# राज्यपालांच्या  खुशाल कल्याण यात्रेची सांगता

ता. 14 जुलय 2025

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज पणजी शारांतले श्री महालक्ष्मी देवस्थान, जामा मस्जिद आनी अवर लेडी ऑफ इमॅक्युलेट कन्सेप्शन चर्चीक भेट दिवन आपल्या "खुशाल कल्याण यात्रे ची सांगता केली. गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई ह्या भेटी वेळार उपस्थित आशिल्ल्यो.

राज्यपालान आपल्या खुशाल कल्याण यात्रे निमतान भेट दिल्ल्या राज्यांतल्या सगल्या धार्मिक थळांक मेळून सुमार 20 लाख रूपया देणगी दिली.

श्री महालक्ष्मी देवस्थानात श्री. गौरिष धोंड आनी देवस्थान समितीच्या हेर वांगड्यांनी राज्यपालांक येवकार दिलो. राज्यपालाक शाल भेटोवन देवस्थान समितीच्या वतीन सत्कार केलो.

जामा मस्जिदीत शेख हसन मुस्ताफा हांणी फुला भेटोवन राज्यपालाक येवकार दिलो.

उपरांत राज्यपालान अवर लेडी ऑफ इमॅक्युलेट कन्सेप्शन चर्चीक भेट दिली. पॅरीश प्रिस्ट फा. सिप्रियान डिसिल्वा आनी फा. हेस्टन फर्नांडिस हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो.

"खुशाल कल्याण यात्रेत " राज्यपालान धार्मिक थळांक भेट दिवन गोंय आनी देशांत शांतीकाय, खुशालकाय आनी लोककल्याणा खातीर प्रार्थना केली. तशेंच भेट दिल्ल्या धार्मिक थळांक दर एक 50,000/- रूपयांचो चेक भेटयलो.

राज्यपाला वांगडा राज्यपालांचे सचीव श्री संजीव गावस देसाय; राज्यपालांचे विशेश अधिकारी श्री आर. मिहिर वर्धन आयएएस (निवृत्त); इतिहासकार श्री संजीव सरदेसाय, राजभवनातले अधिकारी श्री ए. कल्याण हर्ष आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/604

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.